*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**एकता दौडीचो उपमुख्यमंत्र्या हस्तुकीं शुभारंभ**

ता. 31 ऑक्टोबर 2019

गोंय पुलीस विभागान भारताचे पयले उपप्रधानमंत्री सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या 144 व्या जयंती निमतान आयज न्हंयबाग ते पेडणे बाजारपेठ मेरेन आयोजीत केल्ल्या एकता दौडीचो उपमुख्यमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी बावटो दाखोवन शुभारंभ केलो.

हे वेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी भारताच्या एकते खातीर सरदार वल्लभभाई पटेल हांणी दिल्ल्या योगदानाचो उगडास करून देशाची एकता मजबूत करपा खातीर 31 ऑक्टोबराक देशभर राष्ट्रीय एकता दीस पाळटात, अशें तांणी सांगले.

पेडणे नगरपालिकेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती सुविधा तेली, नगरसेवक श्रीमती उषा नागवेकर, न्हंयबागचे सरपंच श्री. पद्मनाभ आसोलकर आनी पुलीस निरीक्षक श्री. संदेश चोडणकर ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/757